# एससी/एसटी पंच आनी नगरसेवकांखातीर कार्यशाळा जाग्रुती

ता. 12 ऑक्टोबर 2017
20 आश्विन 1939

गोंय अनुसूचीत जाती आनी जमाती आयोगान अनुसूचीत जाती आनी जमातीतले ग्रामपंचायत पंच वांगडी आनी नगरपालिकांच्या नगरसेवकांखातीर ता. 16 ऑक्टोबर 2017 दीसा रविंद्र भवन, फातोर्डा-मडगाव हांगा सकाळी 9.30 ते सांजवेळा 4.00 वरांमेरेन एका दिसाची जाग्रुताय कार्यशाळा आयोजित केल्या.

आदिवासी कल्याणमंत्री श्री. गोविंद गावडे, दक्षिण गोंयचे खासदार श्री. नरेंद्र सावयकार, एससी/एसटी आयोगाचे अध्यक्ष श्री. प्रकाश एस. वेळीप हया कार्यक्रमाक हजर आसतले.

एससी/एसटी पंच वांगडी आनी नगरसेवकांक एससी/एसटी अत्याचार प्रतिबंद कायदो, वनहक्क कायदो आनी आदिवासी सबप्लान येवजण अंमलबजावणी जाग्रुताय करप हो हया कार्यशाळेचो उद्देश आसा.